Cm Ganesh

गौंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रिकार हे रातदीस गोंयचे उदरगती खातीर वावुरले. देशाचे संरक्षणमंत्री म्हूण तांणी देशा खातीर खूब मोलादीक योगदान दिलां. उदरगतीचें तांचें सपन पुराय करपाक सरकार बांदील आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सांगलें,

आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार हांकां तांचे काल पुण्यतिथीचे निमतान, मिरामारा परिकार हांच्या समाधी थळाक भेट दिवन मुख्यमंत्री सावंत हांणी आर्गा ऑपलीं.

17 मार्च 2019 हे दिसा पर्रिकार संवसाराक अंतरले. काल तांच्या मरणाक आयज 5 वर्सां पुराय जातात. भाजपाच्या सगल्या फुडाऱ्यांनी समाधी थळाक भेट दिवन पर्रीकार हांकां आर्गा ऑपली. मुख्य सचीव, पुलीस मुखेली हांणीय आर्गा ऑपलीं.

मोपा विमानतळार डिजीयात्रा सुविधाः 95

मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचेर १ एप्रिल सावन डिजीयात्रा पद्दती वरवीं फेस डिटेक्शन आदारीत विमानतळ प्रवेश सुविधा चालीक लागतली. चडश्या भारतीय विमानतळांचेर ही सुविधा आदीं सावन चलणूकेंत आसा. आता ह्या विमानतळांच्या वळेरेंत बसपाचो मान, मोपा विमानतळाक फावो जातलो. १ एप्रिल लावन सुरू जावपी कागद विरयत बोर्डिंग प्रक्रियेक लागून प्रवाशांक विमानतळार बेगीन प्रवेश आनी बोर्डिंग करपाक मेळटलें. ही पद्दत फेस डिटेक्शन पद्दतीचो वापर करून प्रवाशांची वळख आनी भोंवडेची म्हायती तपासता, जाका लागून प्रवाशांक विमानतळाच्या तपासणी केंद्रांतल्यान सहजतायेन वचूंक मेळटा. जीएमआर गोवा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ लिमिटेडचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी आर व्ही शेशन हांणी ही म्हायती दिल्या.

मोपा विमानतळार डिजीयात्रा सुविधाः 95

मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचेर १ एप्रिल सावन डिजीयात्रा पद्दती वरवीं फेस डिटेक्शन आदारीत विमानतळ प्रवेश सुविधा चालीक लागतली. चडश्या भारतीय विमानतळांचेर ही सुविधा आदीं सावन चलणूकेंत आसा. आता ह्या विमानतळांच्या वळेरेंत बसपाचो मान, मोपा विमानतळाक फावो जातलो. १ एप्रिल लावन सुरू जावपी कागद विरयत बोर्डिंग प्रक्रियेक लागून प्रवाशांक विमानतळार बेगीन प्रवेश आनी बोर्डिंग करपाक मेळटलें. ही पद्दत फेस डिटेक्शन पद्दतीचो वापर करून प्रवाशांची वळख आनी भोंवडेची म्हायती तपासता, जाका लागून प्रवाशांक विमानतळाच्या तपासणी केंद्रांतल्यान सहजतायेन वचूंक मेळटा. जीएमआर गोवा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ लिमिटेडचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी आर व्ही शेशन हांणी ही म्हायती दिल्या.

क्लिनिकल इस्टाब्लीशमेंट 90

खासगी क्लिनिक, ड़ीसपेन्सरी हांका क्लिनिकल इस्टाब्लीशमेंट कायद्याखाला नोंदणी खातीर एक वर्साची मुजतवाड मेल्ल्या, हे विशीचो अध्यादेश जारी जाला.

गोय सरकारच्या क्लिनीकल इस्टाबलिशमेंट कायद्याखाला 31 मार्च मेरेन नोंदणी करप सक्तीचे आशिल्लें. आता नोंदणी खातीर 15 मार्च 2025 मेरेन मुजत आसा. कायदो फाट्यान जारी केल्ल्या अध्यादेशाचेर राज्यपालान सय केल्या. काय क्लिनिक, ड़ीसपेन्सरीची तात्पूरती नोंदणी आसा. काय जाणांची नोंदणीच ना. तात्पुरती नोंदणी आसा तांका सुद्दा कायम नोंदणी खातीर एक वर्साची मुजत मेळटली. खासगी दोतोरांची क्लिनीका, डीसपेन्सरी हांची म्हायती मेळची आनी नियंत्रण दवरप शक्य जावचे म्हूण सरकारान क्लिनीकल इस्टाबलिशमेंट आनी नोंदणी कायदो संमत केला.

रवी नायक

गाँयांत आतां आफ्रिके सावन काजु हाडून तो 'गॉयच्चो काजु' म्हूण विकतात. ह्या काजूंबाचो दर्जा खुबच बाबत देखून गोंयच्या काजाचें नांव बदनाम जालां. लोकांनी सादुर रावचें आनी हाचेर कारवाय करपा खातीर सरकाराक मजत करची, असो उलो शेतकी मंत्री रवी नायक हांणी मारला.

पष्णजे नागरी पुरवण मंत्री रवी नायक हांचे हस्तुकी जागतीक गिरायक दिसाचे कार्यावळीचें उक्तावण जाल. पणते

उक्तावण सुवाळ्यांक नागरी पुरवण सचिव संजित राड्रीग्स, सहकार निबंधक अरविंद बुगडे, सहकार संचालक जयंत तारी आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले. मुखेल सोयरे म्हण वी उत्तयताले. गोंयर्यीत् आता भायले काजू येतात. तांचो दर्जी सामकोच बाबत आनी ते कुशिल्ले आसतात. गिरायक ते घेता.'